July 3 2025

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी घानाच्या त्यांच्या राजकीय दौऱ्या खातीर अक्रा पावले. थंय तांका घानाचे राष्ट्राध्यक्ष जॉन ड्रामानी महामा हाणी येवकार दिलो.आणि त्यांचे औपचारिक स्वागत केले. ही भेट दोनुय राष्ट्रांमधल्या इश्टागतीच्या इतिहासिक बंधांचे प्रतिबिंब आसा. उच्चस्तरीय चर्चा आता ज्युबिली हाऊसात जातली प्रमुख चर्चा विशयात आर्थिक सहकार्य, शेती, संरक्षण आणि डिजिटल भौशिक मुळाव्या सुविधांचो समावेश आसा. घाना-भारत संयुक्त आयोगाच्या स्थापने विशीची समजीकायेची कबलात,पर्यायी .वखदां संस्थांमधली समजीकायेची कबलात,सांस्कृतिक देवाणघेवाण कबलात आणि उपप्रदेशात भलायकी सुरक्षा बळकट करपाक घानात लसीकरण केंद्र स्थापन करपाक एक परिवर्तनकारी समजीकायची कबलात प्रतिनिधी मंडळ पातळी वेली चर्चा पूराय जाले उपरांत संयुक्त पत्रकार परिषदेत जाहीर जावपाची अपेक्षा आसा. प्रधानमंत्री मोदी घानाचो सर्वोच्च राज्य सन्मान, कंपॅनियन ऑफ द ऑर्डर ऑफ द स्टार ऑफ घाना स्वीकारतले. घानातले भारताचे उच्चायुक्त मनीष गुप्ता हाणी हेवीशी म्हायती दितन सांगले

---

संसदेचें पावसाळी अधिवेशन 21 जुलय सावन सुरू जातलें आनी 21 ऑगस्ट मेरेन चालू आसतलें.संसदीय वेव्हार मंत्री किरेन रिजिजू हांणी सांगलें की, 21 जुलय ते 21 ऑगस्ट 2025 मेरेन पावसाळी अधिवेशन आपोवपाच्या सरकाराच्या प्रस्तावाक राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हाणी मान्यताय दिल्या.

---

३८ दिसांची वर्सुकी श्री अमरनाथ जी यात्रा आज दक्षिण काश्मीरातल्या पहलगाम आणि मध्य काश्मीराला गंदरबल जिल्ह्यातल्या बालटाल या दोन मार्गा वेलान कडक सुरक्षेत औपचारिकपणान सुरू जातली. पवित्र गुहा शिवलिंगासारखी दिसपी बर्फाच्या थरांखातीर फामाद असा. ही गुहा काश्मीर प्रदेशात हिमालयात १२,७५६ फूट उंचायेर आसा. बाल्टाल मार्गार २३०० परस चड यात्रेकरूंक आणि पहलगाम मार्गार ३००० परस चड यात्रेकरूंक घेवन वचपी सुमार २९९ वाहनां श्रीनगर-जम्मू राष्ट्रीय महामार्गावेल्यान काश्मीर प्रदेशात सुरक्षितपणान पावली. काश्मीर देंगणात पावतकीच यात्रेकरू "बम बम भोले" आणि "जय बर्फानी बाबा की जय" असे म्हणताले, ताचे आदी उपराज्यपाल मनोज सिन्हा हाणी काल फातोडेर श्री अमरनाथ

जीच्या पवित्र गुहेच्या यात्रेखातीर भाविकांच्या पयल्या पंगडाक पाचवो बावटो दाखयलो

---

अमेरिकेकडे आशिल्ल्या भारताच्या संबंदांचेर पाकिस्तानाचो परिणाम जायना अशें विदेश व्यवहार मंत्री डॉ. एस. जयशंकर हाणी वॉशिंग्टनांत पत्रकार परिशदेंत उलयतना सांगले. तांणी भारत-अमेरिकेचे संबंद तिसऱ्या देशांकडचयान न्हय तर परस्पर हिताचेर बांदल्यात हाचेर भर दिलो. आमी दुसऱ्याचेर आदारीत स्वताची व्याख्या करप बंद करचें आनी भारत-अमेरिका सारके व्हड संबंद सामायिक फायद्याचेर, वेपार, गुंतवणूक, तंत्रगिन्यान, उर्जा आनी गतिशीलता हाचेर आदारीत आसा अशें तांणी सांगलें.

---

म्हायती आनी प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव आयज नवी दिल्लींत प्रसारण आनी माध्यम तंत्रज्ञानाचेर जावपी 29व्या आंतरराष्ट्रीय परिशदेचें आनी प्रदर्शना बीईएस एक्स्पो 2025चें उक्तावण करतले. अंदूच्या परिशदेचो विशय एआय वरवीं मिडिया लॅंडस्केपांचे रूपांतर: तयार करा, सहयोग करा आणि कमाई करा असो आसा . तीन दिसांच्या परिशदेंत देश आनी परदेशांतले नामनेचे प्रसारक, माध्यम उद्देगाचे वेवसायीक आनी वक्ते व्याख्यानां दितले आनी अत्याधुनीक प्रसारण विशयांचेर चर्चा करतले.

---

जलशक्ती मंत्री सीआर पाटील हाणी नवी दिल्लीत एकात्मिक हुवार अंदाज प्रणाली सी-फ्लडचे उक्तावण केले. ही एक वेब-आधारित माची जे गाव पातळी मेरेन दोन दिसांची आगाऊ हुवाराचो अंदाज प्रदान करता. ही माची राष्ट्रीय आणि प्रादेशिक संस्थांकडच्यान हुंवार मॉडेलिंग आउटपुट एकत्रित करपी एक एकीकृत प्रणाली म्हण काम करतली, आपत्ती व्यवस्थापन अधिकाऱ्यां खातीर एक व्यापक निर्णय-समर्थन साधन प्रदान करतली. सध्या ही प्रणाली महानदी, गोदावरी आणि तापी नदी देंगणाक व्यापता. मंत्र्यांनी संबंधित संस्थांक जनजागृती आणि तयारी वाडोवपाक सी-फ्लड पोर्टल व्यापकपणान लोकप्रिय करपाचे आणि सगळ्या न्हय देगणाक व्यापुन उडोवपी हुवार अभ्यासां खातीर एक व्यापक योजना तयार करपाचे निर्देश दिले.

---

लोकसभा सभापती ओम बिर्ला आयज हरियाणाच्या मानेसरांत राज्य आनी संघराज्यांतल्या शारी थळाव्या संस्थांच्या अध्यक्षांच्या पयल्या राष्ट्रीय पांवड्यावेल्या परिशदेचें उक्तावण करतले. दोन दिसांच्या परिशदेचो विशय - घटनात्मक लोकशाय आनी राष्ट्र निर्मिती घटमूट करपाक शारी थळाव्या संस्थांची भुमिका असो आसा.

शारीकरण जावपी देशांतल्या शारी थळाव्या संस्थांची म्हत्वाची भुमिका सांगपा खातीर एक म्हत्वाची माची म्हूण काम करपाचो हे परिशदेचो हेत आसा. तशेंच लोकशाय संस्था घटमूट करपाचो, उत्तम पद्दती वांटपाचो आनी समकालीन काळांत शारी शासनाचे अभिनव पद्दतींचो सोद घेवप आनी उजवाडावपाचो हेत आसा. कार्यावळींत वांटो घेवपी प्रतिनिधी घटनात्मक आज्ञापत्र पुराय करपाक नगरपालिका शासन चड प्रभावी करप आनी भौशीक वितरण आनी नागरिकांच्या जिणेचो दर्जो सुदारप अशा गंभीर प्रस्नांचेर विचार करतले.

---

संवसरीक घुवळी वखदांचा कार्टेलचो पर्दाफाश केल्याबद्दल घरमंत्री अमित शाह हाणी मादक पदार्थ नियंत्रण खात्याचे एनसीबीचे अभिनंदन केले. केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह हाणी म्हणला की सरकार प्रत्येक ड्रग्ज कार्टेलचो नाश करपाक आणि तरणाट्यांचे संरक्षण करपाक कटिबद्ध आसा.. या चौकशीन बहु-एजन्सी समन्वयाचे एक उत्कृष्ट उदाहरण प्रस्थापित केला, जाका लागुन आठ जणांक अटक केल्या आणि पाच कन्साइनमेंट जप्त केला तर अमेरिका आणि ऑस्ट्रेलियात चार खंडांमदीआणि १० परस चड देशांमदी कार्यरत आशिल्या या टोळी आड कारवाय सुरू केल्या अशे ताणी सांगले

---

कामगार आणि रोजगार मंत्री मनसुख मांडविया हाणी सांगला की, रोजगार संलग्न प्रोत्साहन (ELI) येवजणे वरवी मुखावेल्या चार वर्सात कर्मचारी आणि मालकांक एक लाख कोटी रुपया दितले. नवी दिल्लीत माध्यमांकडे उलयताना मंत्र्यान म्हणले की, ही येवजण सरकारच्या रोजगार-केंद्रित धोरणाचो परिणाम आसा. या योजनेअंतर्गत, नवीन नोकरी मेळोवपी खंयच्याय तरणाट्याक वरसातल्यान दोनदा सात हजार पाचशे रुपये दितले. मांडविया हाणी अशेय अधोरेखित केले की प्रधानमंत्री मोदी हाणी देशातल्या तरणाट्यांक रोजगार सुनिश्चित करपाक पाच वर्सांचो कार्यक्रम आखला

---

आदिवासी कल्याण संचालनालयान आज सकाळीं 10.00 वरांचेर सांगेच्या नगरपालिका सभाघरांत धरती आबा जनभागीदारी अभियान ही एक भव्य कार्यावळ घडोवन हाडल्या. भारत सरकाराचे केंद्रीय आदिवासी वेव्हार मंत्री जुआल ओराम मुख्यमंत्री डॉ प्रमोद सावंत समाज कल्याण मंत्री सुभाष फळ देसाय, गोंय विधानसभेचे अध्यक्ष रमेश तवडकर ह्या काय्यक्रमाक हाजीर आसतले.

---